PANAJI

Regional News

08.07.2025 @ 7.20 pm

बायलांचे सक्षमीकरण जावप महत्वाचे .गोंयात आप मजत गटांच्या बायवांक रिण दिवन तांच्या उत्पादनांच्या निर्मिती करपा पासत मार्केटींग करपामेरेन सरकार तांका मजत करता. बॅंकीनी तांक रिण दिल्यापासुन हया गटांक आनीक बरे बळगे आयला. गोंयात सुमार 3250 आप मजत गट आसात, जाल्यार ह्या गटांनी वेगवेगळयो वस्तु विकुन 350 कोटी रुपयाची उलाढाल केला. 3250 गटापैकी फकत 1120 गटांनी बॅंकाकडल्यान रिण घेतला, जर राज्यातले सगळे आप मजत गट रिण घेवन उत्पादन निर्मिती आनी विक्री करपाक मुखार सरत जाल्यार 900 कोटी रुपया उलाढालीची ताक राज्यातल्या आप मजत गटांच्या बायलांमदी आसा असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत ह्यांणी व्यक्त केला. बॅकांनी आप मजत गटांक सक्षम करपाक मजत करची अशें आवाह्न तांणी केला. अनुभुती ह्या national conference on fianancial inclusion ह्या कार्यावळीत ते उलयताले. . केंद्रिय गांव उदरगत मंत्रालयान ,goa state rural livlihood mission च्या जोडालवान 3 दिसाची ही परीशद गोंयांत पणजे आयोजित केल्या. ह्या परीशदेत देशभरातले बॅंक अधिकारी, तशेंच वेगवेगळया राज्यतल्या rural livlihood missionच्या अधिकाऱ्यांनी वाटो घेतला.

गोंय कामगांर कल्याण मंडळ गोंयातल्या उद्देगीक कामगारांच्या फायद्याखातीर अनेक कल्याणकारी येवजण्यांची अंमलबजावणी करता. 2025-2026 वर्सा खातीरय राज्यातल्या पात्र उद्देगीक कामगारांक ह्या येवजण्यांखाला मदत आनी लाव दिवपाचो मंडळाचो प्रस्ताव आसा. उद्देगीक कामगार वा कर्मचाऱ्यांच्या शा

ळेत वचपी भुरग्यांक पुस्तकां, चोपड्यों खरेदी करपा खातीर आर्थिक मदत, पयली ते चौथी मेरेनच्या वर्गात शिकपी भुरग्यांखातीर गणवेशाचो एक जोड पुरवण करपा खातीर आर्थिक मदत, शाळां आनी महाविद्यालयांनी शिकपी भुरग्यांक शिश्यवृत्ती येवजण, मंडळ वा विद्यापीठाच्या निमण्या परीक्षेत घेतिल्ल्या गुणांच्या आदाराचेर आर्थिक मदत येवजण. चली विद्यार्थीनीक शाळां/महाविद्यालयांतल्या हजेरी प्रमाण 5 वी वर्गा सावन फुडल्या खंयच्याय क्षेत्रातल्या शिक्षणामेरेन अर्थिक मदत येवजण. ह्या शिक्षणीक येवजणांचो लाव घेवपा खातीर

अर्ज करपाची निमणी तारीख 30 सप्टेंबर 2025 अशी आसा.  शिक्षणीक येवजणांचो लाव घेवपा खातीर कामगार स म्हयन्यांपरस चड काळ सतत सेवेत आसपाक जाय. ह्या येवजणांचो लाव घेवपा खातीर उद्देगीक कामगार आनी कर्मचाऱ्यांनी आपल्या मालकांमार्फत सचिव, गोंय कामगांर कल्याण मंडळ, श्रमशक्ती भवन, चौथो माळो, पाटो प्लाझा, पणजी गोंय ह्या नाम्याचेर अर्ज करचे.

नौदळान 11 जुलय 2025 दिसा हेडलॅण्ड सडा-मुरगांव हांगा नौदळाच्या जवानांखातीर सकाळी 9.00 ते दनपारा 1.00 वरा मजगती फारपेट सराव प्रशिक्षण आयोजीत केला. मुरगांव हेडलॅण्ड सडासावन दर्याविटेनच्या 15 मैल वाठारामेरेन फारपेट सराव जातलो आनी ह्या वाठारांत प्रवेश करप धोक्याचें आसतले. ते खातीर फारपेट सरावाच्या काळात बोटी, बार्जी आनी हेर नाविकांनी धोक्याच्या दर्या वाठारांत प्रवेश करचो न्हय, अशें कळीत केला.

कुंकळ्ळी बंडाच्या नायकांक श्रद्धांजली ओपपाक 15 जुलय 2025 दिसा नायक हुतात्मा दीस पाळतले . कुंकळ्ळीच्या नायक हुतात्मा स्मारकालागी सकाळी 9.30 वराचेर घरखात्या वतीन आयोजीत कार्यक्रमात समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय आनी हेर मानेस्त कुंकळ्ळी बंडाच्या नायकांच्या स्मारकाक फुलाहार अर्पण करतले. उपरांत समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांचे भाशण जातले.  15 जुलय 1583 दिसा पोर्तुगीज सत्तेआड गोंयकारांनी केल्ल्या बंडाच्या उगडासाक राज्य सरकारावतीन दरवर्सा 15 जुलयाक नायक हुतात्मा दीस पाळटात.

फादर फ्रेडी द कॉस्ता यादस्तिक प्रतिष्ठानावतीन दिवपी गुलाब २०२४ चे पुरस्कार जाहीर जाल्ले आसून कोंकणी प्रकाशक प्रभाकर भिडे हांकां गुलाब व्यक्तिमत्व पुरस्कार जाहीर केला. हेर पुरस्कारामदीं काेंकणी लेखक तिअोतिनयो कॉस्ता हांकां गुलाब लेखक पुरस्कार, पत्रकार रुपेश सामंत हांकां फेलिसियो कार्दोज पत्रकार पुरस्कार, तियात्रिस्त सिरियाको डायस हांकां गुलाब तियात्रिस्त पुरस्कार, आदले सत्र न्यायाधीश विन्सेंट डिसिल्वा हांकां गुलाब वेवसाय पुरस्कार जाहीर केला. २० जुलय दिसा मडगावच्या रवीन्द्र भवनात जावपी सुवाळ्यात हे पुरस्कार भेटोवपाचे आसात. सांजवेळा ३.३० वरांचेर जावपी ह्या सुवाळ्याक उद्योजक आग्नेल आल्कासोस हे मुखेल सोयरे जाल्यार फादर मायरन बार्रेटो हे खाशेले सोयरे

म्हूण हाजीर आसतले. ह्यावेळार फादर व्हिक्टर फेर्राव हांचे बीजभाशण जातले. हो सुवाळो रवीन्द्र भवनच्या परिशद घरात जातलो.

ट्रायबल रिसर्च इन्स्टिट्यूट, गोंय हांणी आदिवासी कल्याण संचालनालयाच्या सहकार्यान ता. 11 जुलय 2025 दिसा रविंद्र भवन मडगांव हांगा राज्य पांवड्याचेर आदियुवा पथनाट्य सर्तीचें आयोजन केला. हो कार्यक्रम भगवान बिरसा मुंडा हांच्या 150 व्या जयंतीचो भाग म्हूण  जन जातीय गौरव वर्सा निमतान आयोजीत केला.केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालयान गोंय राज्याखातीर राष्ट्रीय पांवड्यार पथनाट्य उत्सव मंजूर केला आनी राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या सर्ती पयली राज्य पांवड्याचेर आदियुवा पथनाट्य सर्तीचें आयोजन करपात येता.11 जुलय 2025 दिसा रविंद्र भवन मडगांव हांगा सकाळी 10.00 वरा सावन आयोजीत करपात येवपी राज्य पांवड्या वयली आदियुवा पथनाट्य सर्त ही आंतर म्हाविद्यालयीन सर्त आसा. राज्य पांवड्या वयल्या सर्तीत निवड जाल्ल्या पंगडाक ता. 19 आनी 20 ऑगस्ट 2025 दिसा जावपी राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या आदियुवा पथनाट्य सर्तीत गोंय राज्याचें प्रतिनिधित्व करपाक मेळटले.

सूक्ष्म, लघू  आनी मध्यम उद्देग विकास आनी सुविधा कार्यालयान मडगांवच्या  तरंग गोवा एजी-3 च्या सहकार्यान 31 जुलय ते 3 ऑगस्ट 2025 मेरेन हाऊसिंग बोर्ड कॉलनी, दुर्गावाडी, ताळगांव हांगा एमएसएमई खातीर तरंग उत्सव प्रदर्शनाचें आयोजन केला. ह्या उत्सवात वाटो घेवपा खातीर गोंय राज्यांतल्या सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देंगांक प्रोत्साहन दितले. ह्या उत्सवात सहभागी जावपा खातीर  एमएसएमई कडल्यान तां 21 जुलय 2025 मेरेन ऑनलायन अर्ज स्विकारतले. गोंयांतले हस्तकारांगिरी, टेक्सटाईल, इंटेरीयर डेकॉर, आर्ट/क्राफ्ट, साडी, ज्वेलरी, फर्निचर, थळावी उत्पादनां, हेल्थ व्हेलनेस आनी हेर लघू उद्देग क्षेत्रांतले उत्पादक आनी सेवा दिवप्यांनी ह्या प्रदर्शनात सहभागी जावपा खातीर आपल्या उद्यम नोंदणी क्रमाका वरवीं ऑनलायन अर्ज  करचे.

फोंडे टेबल टेनीस स्पोर्टस् क्लबाचे वतीन पयली अखील गोंय मानांकन टेबल टेनीस सर्त १० तें १३ जुलय मजगतीं जातली.ही सर्त गोंय टेबल टेनीस संघटनेच्या पालवान फोंडेच्या खेळा प्रकल्पाच्या इंडोअर स्टेडियमांत खेळयतले.राज्य मानांकन सर्त चले चलयांच्या ११,१३,१५, आनी १९ वर्सां पिराये खालच्या गटांत घेतले.जाल्यार फोंडें म्हाल पावंड्यावयली सर्त १३ तारखेर सकाळीं जातली.मुळाव्या आनी हायस्कूलाच्या चले,चलयांच्या गटांत उकती,एकोडी

आनी दोट्टी गटांत ही सर्त जातली.हे सर्तिचें आनीक एक खाशेलपण म्हळ्यार पेरा खेळगड्यांखातीर स्टेंडींग आनी व्हील चेयराचेर सर्त घेतले,अशी म्हायती फोंडेचे नगरसेवक विश्र्वनाथ दळवी हाणी पत्रकार परीशदेंत दिली.हे वेळार फोंडें म्हाल टेबल टेनीस संघटनेचे पदाधिकारी अमोघ नमशीकार आनी सिध्दार्थ डांगी हाजीर आशिल्ले.सर्तिंतल्या जैतीवंतांक आकर्शक इनामां भेटयतले.इत्सूक खेळगड्यांनी नांव नोंदणी खातीर अमोघ नमशीकार हांचे कडेन संपर्क सादचो अशें जाळवणदारांनी कळीत केलां.

<u>हवामान</u>

काल आनी आयज राज्यांत पावस उणो पडिल्ल्यान राज्यांतल्या तापमानांत वाड जाल्या.हवामान खात्यान ८ते १३ जुलय मेरेन मध्यम पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.ते प्रमाण फुडल्या स दिसांक पावसा खातीर चो येलो एलर्ट जारी केला.फुडल्या तीन दिसांत राज्यांत चडांत चड तापमान ३१ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २५अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.१ जून ते ७ जुलय मजगतीं राज्यांत सरासरीन ४६.०७ईंच पावस पडला.ह्या काळांत धारबांदोडे सगळयांत चड ७१.४७ ईंच पावस पडला जाल्यार सांखळे ५०.९१ ईंच पावसाची नोंद जाल्या.आयज हवामान खात्यान उक्तायल्या अदमासा प्रमाण पणजेंत।चडांत चड तापमान अंश सेल्सियस ज़ाल्यार उण्यांत उणे तापमान। अंश सेल्सियस इतलें नोंद केलां मुरगांवांत चडांत चड तापमान अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान। अंश सेल्सियस इतलें नोंद केलां.